आकाशवाणी पणजी

08/07/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सांजे ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दासिल्वा वांगडा प्रतिनिधी पांवड्यावेली उलोवणी करतले. वेपार, संरक्षण, उर्जा, अंतरिक्ष, तंत्रगिन्यान, शेतकी, भलायकी आनी लोकां मदले संबंद अशा परस्पर हिताच्या मळार दोनूय देशां मदली रणनिती भागीदारी वाडोवपाचेर ही उलोवणी आसतली. उपरांत दोनूय देशां मदी जायत्यो कबलाती जावपाची शक्यताय आसा. रिओ द जानैरिओत जाल्ल्या सतराव्या ब्रिक्स शिखर सभेंत उपरांत प्रधानमंत्री मोदी काल ब्राझीलियाक पावले.

पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या निमाण्या पांवडयार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नामिबियाचे राष्ट्राध्यक्षच्या आमंत्रणा प्रमाण नामिबियाक भेट दितले. प्रधानमंत्री मोदीची ही पयलीच नामिबिया भेट आसा . ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री नामिबियाचो अध्यक्ष नेतुम्बो नंदी-नदैतवाह वांगडा द्विपक्षीय उलोवणी करतले. तशेंच ते नामिबियाचे संसदेंत उलोवप करतले. हेवीशी आमच्या खबरकारान सांगले (bytes 40 sec )

देशांतलें 40 टक्के प्रदुशण थेट येरादारीक लागून जाता, देखून येरादारी खात्याची पर्यावरणाप्रती व्हड जापसालदारकी आसा अशें रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. फरीदाबाद-नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ कॉरिडॉराचेर एक पेड माँ के नाम मोहिमेक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें की एक पेड माँ के नाम हो धर्तरेमातेप्रती एक र्तव्यनिष्ठ उपक्रम आसा आनी नागरिकांची सांस्कृतीक आनी नैतीक जापसालदारकी आसा. भारताच्या मोटार उद्देगान जपानाचेर मात करून संवसारांतलो तिसरो व्हड उद्देग जाला अशें तांणी सांगलें. मोटारी उद्देगाक लागून सुमार साडेचार कोटी तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळ्ळया आनी निर्यातींतय म्हत्वाची भुमिका साकारल्या अशें तांणी मुखार सांगले .

समावेशक बहुपक्षीय धोरणां मुखार व्हरपा खातीर ब्रिक्स ही एक म्हत्वाची आंतरराष्ट्रीय माची आसा अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. रिओ द जनैरिओत जाल्ले ब्रिक्स अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेच्या गव्हर्नर बसकेक टांनी मार्गदर्शन केले . तशेंच आंतरराष्ट्रीय

संस्थांक कायदेशीरपण आनी प्रतिनिधीत्वाचे संकश्ट आयिल्ल्या काळांत एकामेकां कडेन सहकार्य वाडोवप आनी सुदारणांक आत्मविस्वासान आदार दिवप म्हत्वाचें अशें तणी सांगलें.

खोल उदकांतल्या संशोधन आनी उत्पादन तंत्रगिन्यानाखातीर एक घटमूट पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाची येवजणेसयत भारत त्याच्या ऑफशोअर ऊर्जा सोद यत्नांचो विस्तार करपाक सज्ज आसा अशे केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगला . ताणें नॉर्वेच्या बर्गेनातल्या नॉर्दन लायट्स co 2 टर्मिनलाक भेट दिली आनी हायड्रोकार्बन संशोधनाच्या आस्पाव करपी तंत्रगिन्यानाचेर चर्चा केली, तशेच नॉर्वेच्या उर्जा वेवसायिकांवांगडा खोल दर्यांतल्या संशोधनाचेर भासभास केली.

नौदळ मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी, वायुदळ मुखेल एयर मार्शल ए.पी.सिंग आनी लश्करी मुखेल जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी आयज नवी दिल्लींत संयुक्त कारवाय करपा विशीं वरिश्ठ लश्करी अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन केलें.हयवेळार संयुक्त कार्यकारी नियोजनाचेर भर दिल्लो आनी झुजाच्या परिस्थितींत एकवटीत दर्या आनी हवाई झुजाचेर खासा भर दिल्लो.

फाटल्या 11 वर्सांत नरेंद्र मोदी सरकारान केल्ल्या संरचनात्मक सुदारणांक लागून आनी धोरणात्मक उपायांक लागून भारतीय अर्थवेवस्था बळिश्ट जायत आसा अशें भाजपाचे प्रवक्ते जफर इस्लाम हाणी नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना अशें सांगलें. संवसारीक बँकेच्या अहवाला प्रमाण उत्पन्न समानतेंत भारत संवसारीक पांवड्यार चवथ्या सुवातेर पावला आनी ही व्हड अभिमानाची गजाल आसा अशे तांणी मुखार सांगलें.

बिहार सरकारान राज्यत बायलां खातीर राखून दवरिल्ल्या सरकारी नोकऱ्यांनी डोमिसाइल धोरण चालीक लावपाचो निर्णय आयज मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांच येजमानकेखाला जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत घेतला. सध्या सरकारी नोकरेंतल्या बायलां उमेदवारांक 35 टक्के आरक्षण कोटा थारायला. आतां फकत बिहारांत रावपी बायलां उमेदवारांक 35 टक्के आरक्षणाचो फायदो मेळटलो.

हज समितीन हज 2026 खातीर अर्ज करपाची प्रक्रिया अधिकृतपणान उक्ती केल्या.यात्रेकरुंक अधिकृत हज पोर्टल आनी हज सुविधा मोबायल ॲप वरवीं अर्ज सादर करपाक मेळटात. ह्या म्हयन्याचे निमाणे मेरेन ऑनलायन अर्ज स्वीकारतले . अर्ज करचे पयलीं अर्जदारांनी आपले तयारेचो बारीकसाणेन विचार करचो असो सल्लो समितीन दिला.

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेशात चड पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला. तशेंच फुडल्या 2-3 दिसां खातीर अस्तंत बंगाल, ओडिशा आनी झारखंडात उटागराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आयच्यान स्पेनांत सुरू जावपी तिरंदाजी विश्वचषक स्टेज ४ सर्तींत आदली संवसारीक क्रमांक एक ची दीपिका कुमारी आनी आशियाई खेळां सर्तींत भांगरा पदक विजेती ज्योति व्हेनम भारताचे फुडारपण करतले

भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं चालू आशिल्ल्या बायलांच्या टी-20 पांच खेळामळेतलो चवथो खेळ फाल्यां मॅनचेस्टरांत जातलो .